१०-०१-२०२५

सकाळी : ८.४०

राश्ट्रीय खबरो :

मुखेल खबरो:

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज भुवनेश्वरात १८ व्या प्रवासी भारतीय दिवस परीशदेत हजर रावतल्यो.
- दिल्ली विधानसभा वेचणूकेची अधिसूचोवणी आयज जारी जातली.
- मुंबईच्या माझगाव डॉक शिपबिल्डर्स लिमिटेडान प्रोजेक्ट पी-७५तली ६वी स्कॉर्पिन पाणबुडी, वागशीर, नौदळाक केली सुपूर्द.
- महाकुंभ 2025 खातीर खासा आकाशवाणीचें कुंभवाणी चॅनल आयज उत्तर प्रदेशांतल्या प्रयागराजांत सुरू जातलें.
- बायलांच्या एका दिसाच्या आंतरराश्ट्रीय क्रिकेट खेळात आयज भारत आनी आयर्लंड पंगडामदी तीन खेळांच्या खेळामाळेतलो पयलो एकादिसाचो खेळ गुजरातातल्या राजकोटात जातलो.

राष्ट्रपती - ८०

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज भुवनेश्वरात १८ व्या प्रवासी भारतीय दिवस परीशदेत हजर रावतल्यो. ह्यावेळार, त्यो सुमार ७५ देशांतल्यान व्हडा संख्येन आयिल्ल्या अनिवासी भारतीयांकडेन संवाद सादतल्यो. बुधवारसावन सुरू जाल्ल्या ह्या तीन दिसांच्या परिषदेचो आयज निमणो दिस आसा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी ह्या परिषदेचे औपचारिक उक्तावण केल्ले.

राष्ट्रपती मुर्मू वेगवेगळ्या मळावेल्या उत्कृष्टतायेखातीर प्रवासी भारतीय सन्मान लेगित भेटयतल्यो. हो पुरस्कार अनिवासी भारतीय, भारतीय मूळ व्यक्ती वा प्रवासी भारतीयाक दितात.वा पीआयओन स्थापन केल्ल्या खंयच्याय संघटनेक वा संस्थेक मेळपी हो सर्वोच्च भोवमान आसा.

दिल्ली वेचणूकेची अधिसूचोवणी - ३०

दिल्ली विधानसभा वेचणूकेची अधिसूचोवणी आयज जारी जातली. अधिसूचोवणी जारी जाल्या उपरांत नामांकन प्रक्रिया सुरू जातली. १७ जानेवारीमेरेन नामांकन अर्ज भरपाक मेळतले. आमच्या खबराकारान दिल्ल्या म्हायती प्रमाण २० जानेवारीमेरेन नामांकन अर्ज फाटी घेवपाक मेळतले.

राष्ट्रीय युवा संसद सर्त - ६०

संसदीय वेव्हार मंत्री किरण रिजिजू आयज नवी दिल्लीतल्या केंद्रीय विद्यालयांक ३४ व्या राष्ट्रीय युवा संसद सर्त २०२३-२४ चे पुरस्कार भेटयतले. केंद्रीय विद्यालय संघटनेच्या २५ विभागांमदी पातळील्या सुमार १५० केंद्रीय विद्यालयांनी ह्या सर्तींत वाटो घेतील्लो, अशें संसदीय कामकाज मंत्रालयान एका निवेदनात म्हळा. तरनाट्यांमदी स्वयंशिस्त, वेगवेगळ्या विचारांविशी सहिष्णुता आनी लोकशाय जीणशैलीचे हेर गुण विकसित करप हे युवा संसद सर्तीचे मुखेल हेत आसा अशेंय ह्या निवेदनात म्हळा.

पी एम - ८०

वेगवेगळ्या संवसारीक समस्यांचेर उपाय सोदपाखातीर पूराय संवसार भारताकडेन पळयता ही गजाल प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उजवाडाक हाडलां. काल दिल्लीतल्या जीनोमिक्स डेटा कॉन्क्लेव्हात  एका व्हिडिओ संदेशात ते उलयताले. जीनोम इंडिया प्रकल्प हो देशाच्या जैवतंत्रगिन्यान क्षेत्रात एक निर्णायक खीण आसा अशेंय तांणी म्हळे.

२१ व्या शेकड्यातले जैवतंत्रगिन्यान आनी बायोमासचे संयोजन विकसित भारताच्या जैव अर्थव्यवस्थेखातीर एक महत्त्वाचा पावल थारला, अशेंय प्रधानमंत्र्यांनी स्पश्ट केले. फाटल्या १० वर्सांत जैव-अर्थव्यवस्था १० अब्ज डॉलर्सवेल्यान १५० अब्ज डॉलर्समेरेन वाडल्या ह्या गजालीचेर लेगित प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भर दिलो.

राजनाथ सिंग - १००

एरो इंडिया २०२५ पयली संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आयज नवी दिल्लीत राजदूतांच्या बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळतले. ह्या कार्यावळीत वाटेकार जावपाखातीर देडशेपरस चड ईश्ट देशांच्या राजदूतांक आनी उच्चायुक्तांक आपयला. आशियातलो सगळ्यात व्हड एअर शो आशिल्लो एअरो इंडियाच्या १५ व्या आवृत्तीचे १० ते १४ फेब्रुवारी मजगती बेंगळुरूतल्या येलहंका हवाई दळ केंद्राचेर आयोजन केला. "रनवे टू अ बिलियन अपॉर्च्युनिटीज" हो ह्या वर्साच्या कार्यावळीचो विशय आसा. स्वदेशीकरण प्रक्रियेक गती दिवपाखातीर आनी अत्याधुनिक तंत्रगिन्यानाचे प्रदर्शन करपाखातीर, एअरो इंडिया, परदेशी आनी भारतीय कंपन्यांमदी भागीदारी निर्माण करपाखातीर एक माची दिता. संरक्षण मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण हे कार्यावळीचे पयले तीन दीस वेवसायीक दीस आसतले, जाल्यार 13 आनी 14 फेब्रुवारीक सामान्य लोकांक परवानगी दितले.

क्रिकेट - ६०

बायलांच्या एका दिसाच्या आंतरराश्ट्रीय क्रिकेट खेळात आयज भारत आनी आयर्लंड पंगडामदी तीन खेळांच्या खेळामाळेतलो पयलो एकादिसाचो खेळ गुजरातातल्या राजकोटात जातलो. हो खेळ सकाळी ११वरांचेर सुरू जातलो. कर्णधार हरमनप्रीत कौर आनी रेणुका सिंग ठाकूर हांका विसांव दिला. स्मृती मनधना भारताचे कर्णधार तर दीप्ती शर्मा उपकर्णधार आसतले.

ह्या खेळामाळेतलो दुसरो खेळ आयतारा आनी तिसरो खेळ १५ जानेवारीक जातलो. फाटल्या म्हयन्यात जाल्ल्या एकादिसांच्या खेळामाळेत भारताने वेस्ट इंडिजाक ३-० अशें हारयल्ले.

आर.जी. कर - ९०

कोलकातातले एक खासा न्यायालय आर.जी. कर मेडिकल कॉलेज आनी हॉस्पिटलातल्या दोतोरावेल्या अत्याचार आनी खून प्रकरणात न्यायालय १८ जानेवारीक निकाल दितले. फाटल्या वर्सा ११ नोव्हेंबराक खटलो सुरू जाल्याउपरांत ६८ दिसांनी निकाल जाहीर जातलो.

९ ऑगस्टाक आर जी कर मेडीकल कॉलेजीत सेमिनार हॉलात दोतोराची कूड मेळील्ली. ह्या प्रकरणात कोलकाता पुलिसांनी संजय रॉय हाका अटक केल्ली. केंद्रीय तपास विभागानूंय तपास केलो आनी ह्या अत्याचार आनी खून प्रकरणात संजय रॉय हो एकोडो मुखेल आरोपी आसा अशें म्हूणील्ले.

तपास ब्युरोन वैजकी महाविद्यालयाचे तत्कालीन प्राचार्य संदीप घोष हांकाय पुराव्यांकडेन छेडछाड केल्याच्या आरोपाखाला अटक केल्ली. हालीच खासा न्यायालयान तांका जामीन मंजूर केलो.

पाणबूडी - ९०

मुंबईच्या माझगाव डॉक शिपबिल्डर्स लिमिटेडान प्रोजेक्ट पी-७५तली ६वी स्कॉर्पिन पाणबुडी, वागशीर, नौदलाक सुपूर्द केल्या. एका अधिकृत निवेदनाप्रमाण,

स्कॉर्पिनात वापर केल्ले प्रगत तंत्रगिज्ञान उत्कृष्ट स्टेल्थ खाशेलेपण आनी मार्गदर्शित शस्त्रा वापरून लक्ष्य हुंपपाचे क्षमता दवरता. ह्या गुप्त खाशेलेपणाकलागून पाणबुडी रडार आनी हेर शोध पद्धतींपासून पयस रावता. तशेच , ही पाणबुडी गुप्तचर माहिती एकठाय करपाक आनी क्षेत्र निरीक्षण ह्यासयत हेर कामांखातीर   सक्षम आसा.

कलवारी, खांदेरी, कारंजा, वेला, वागीर आणि आता वाघशीर ह्या ६ पाणबुड्यांसयत भारत पाणबुडी बांधतल्या देशांच्या उच्चेल्या गटात आस्पावीत जाला अशें हेवेळार उलयताना, माझगाव डॉक शिपबिल्डर्स लिमिटेडचे अध्यक्ष आनी वेवस्थापकीय संचालक संजीव सिंघल हांणी म्हळे.

HOME MINISTER - SMART POLICE

पुलीस तशेंच अंतर्गत सुरक्षा हांच्या आव्हानांक येसस्वीपणान तोंड दिवपा खातीर भारतीय पुलीस दळांचें स्मार्ट दळांत रुपांतर करपाक सरकार बांदील आसा अशें केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी सांगलां. काल नवी दिल्लींत पुलिस अनुसंधान आनी विकास ब्यूरो (बीपीआर अँड डी) हांगा जाल्ले नियाळ बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटना मंत्री शाहा उलयताले. बसके वेळार मंत्री शाहा हाणी ब्युरोच्या स विभागांची तशेंच तांचीं कामां, चालू आशिल्लीं कामां आनी फुडाराचो नकासो हांचो नियाळ घेतलो. तशेंच नव्या गुन्यांवकारी कायद्यांची अंमलबजावणी करपा खातीर पुलीस संशोधन आनी विकास ब्युरोन केल्ल्या यत्नांचो आनी उपक्रमांचोय तांणी खाशेलो नियाळ घेतलो. तळागाळांतल्या पुलीस संस्थांक कसली आव्हाना आसात तें सोदून काडपा खातीर बीपीआर अँड डीन संशोधन करचें आनी ताचेर उपाय सोदपाचे दिकेन वावुरचें अशें घरमंत्र्यानी सांगलें.

MORN. KUMBHVANI LAUNCH

महाकुंभ 2025 खातीर  खासा  आकाशवाणीचें कुंभवाणी चॅनल आयज उत्तर प्रदेशांतल्या प्रयागराजांत सुरू जातलें. उत्तर प्रदेशाचे मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ, चॅनल सुरू करतले. म्हायती आनी प्रसारण राज्यमंत्री डॉ.एल.मुरुगान

हे कार्यावळींत आभासी माध्यमावरवी वाटेकार जातले. ह्या कार्यावळी वेळार कुंभ मंगल धुनेचे मुख्यमंत्री उक्तावण करतले.

आकाशवाणीच्या कुंभवाणी चॅनलावरवी आयच्यान 26 फेब्रुवारी मेरेन, सकाळीं 5:55 ते सांजवेळा 10:05 मेरेन महाकुंभाच्या दर एका कार्यावळीचेर आदारिल्ल्या जायत्या कार्यावळींचें प्रसारण जातलें. अमृत स्नान हांची थेट प्रसारण कुंभवाणी चॅनलांवरवी प्रसारीत जातली. हो कार्यक्रम 103.5 मेगाहर्ट्ज फ्रीक्वेंसी, न्यूसनएअर ॲप, आनी वेव्स ओटीटीचेर आयकूंक मेळटलो.

MORN. VIKSIT BHARAT – DIALOGUE

विकसित भारत युवा फुडारी संवाद 2025 आयज नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपमांत सुरू जातलो. तीन दिसांच्या ह्या कार्यावळीचो हेत तरणाट्यांक विकसित भारता खातीर अभिनव उपाय सादर करपाक एक आगळोच मंच दिवपाचो आसा अशें युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्रालयान सांगलें. तरणाट्या फुडाऱ्यांक धोरण निर्माते, राष्ट्रीय आनी जागतीक आयकॉन्स हांचे कडेन थेट संवाद सादपाची संद मेळटली आनी तेच बरोबर राष्ट्राच्या फुडाराक आकार दिवपा खातीर तांचे विचार मांडपाक मेळटले. देशभरांतल्या सुमार 30 लाख तरणाट्यांनी विकसित भारता खातीर आपले विचार मांडपा खातीर वेगवेगळ्या कार्यावळींनी वांटो घेतला, अशें मंत्रालयान सांगलें.

विकसित भारत युवा फुडारी संवादांत वांटो घेवपा खातीर वट्ट तीन हजार तरणाट्यांची निवड जाल्या. धा विशयांचेर लक्ष केंद्रीत करून विशयात्मक सादरीकरण आनी सर्तींनी हे वांटो घेतले. तातूंत विकास भी विरासत भी, विकसित भारता खातीर तरणाट्यांक सशक्त करप, शेतकी मळार उत्पादकता वाडोवप, भारताक संवसाराची स्टार्टअप राजधानी करप, फुडारा खातीर मुळावी बांदावळ उबारप हांचो आस्पाव जाता.

IMD WEATHER-FOG

भारतीय हवामान खात्यान आयज पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, आनी उत्तर प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनी रातच्या वेळार आनी फातोडेर दाट धुक्याची शक्यताय उक्तायल्या. फुडले दोन दीस बिहार, झारखंड, हिमाचल प्रदेश, ओडिशा, आनी उत्तर उदेंत राज्यांत अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा. तशेंच आयज जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, गिलगित, मुझफ्फराबाद आनी हिमाचल प्रदेशात शियेच्या ल्हारांची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान सांगलां. मजगतीं, दाट धुक्याक लागून देशाच्या उत्तरेकडल्या वाठारांत जायत्या रेल्वे आनी विमान उड्डाणांचेर परिणाम जालो. दिल्लीक वचपी सुमार 26 गाडयो उसरा धावतात. इंदिरा गांधी आंतरराष्ट्रीय विमानतळान विमानांचेर जावपी परिणामा विशीं सल्लागार जारी करून विमानाची अद्ययावत म्हायती मेळोवपा खातीर प्रवाशांनी संबंदीत विमान कंपनी कडेन संपर्क सादपाची विनंती केल्या. हवामान खात्यान उत्तर अस्तंत आनी मध्य भारताचेर तापमान 2-4 अंश सेल्सियस वाडपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच आयज बंगालच्या खाडींत वचचे न्ही अशी शिटकावणी नुस्तेमारांक दिल्या.